# मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी

दिलीप बोरकार

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
736
Acc. NO:
10HH
Short Story → Dev
DIL

# मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी

Konkani
Konkani in Devanagari script
A - Novel
001044
L:B01 - R 08 (Rov. A)
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
736
A, DILIP N96

अगस्ती प्रकाशन

मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी

MOSTYA GUNDDUCHI NOSTI BHOUNDDI
Story for Children

(C) विजयालक्ष्मी बोरकार

○ पयली आवृत्ती
१९९६

○ प्रकाशक
अगस्ती प्रकाशन
आगशी - गोंय

A, DILIP N96

○ प्रकाशन क्रमांक ९

○ मुखपृष्ठ
डॉ. सुबोध केरकार

○ रेखाचित्रां
गिरीश नंदा बोरकार

○ छपाई
रूतू ऑफसेट
वळवय - फोंडें, गोंय

○ मोल
रु. ३०/-

○ पूर्व प्रसिद्धी
'भुरग्यांचो राजहंस'
सं. रमेश वेळुस्कार
प्रकाशक : प्रभाकर भिडे
पणजी

1044
Story Dev
DIL

लेखकाचो पतो
दिलीप बोरकार
आगशी - गोंय ४०३ २०४

सुवार्थी मनशांच्या हातांत आतां पर्यावरण ना.
तें आसा गांयडोळां सारख्या जीव - जिवांचेर.....
कळत - नकळत पर्यावरणाचें संतुलन सांबाळपी
सगळ्या ल्हान - व्हड जिवांक .....

# गुंडूचे भोंवडेक सुरवात जांवचे पयलीं.....

हांगा गुंडू म्हळ्यार गांयडोळाचें ल्हान पोर, भुरगो गांयडोळ.

गांयडोळ म्हळ्यार क्षुल्लक जीव. निरूपद्रवी, निरूपयोगी, हळशिकावणो, कोणाकूय गांयडोळाची उपमा दीत जाल्यार ताची तकली सणकता. ताच्या आंगार शिरशिरी येता.

गांयडोळाचेर खूप लोकांनी बरयलां. शास्त्रीय नदरेन आनी साहित्यीक मळार, साहीत्य निर्मणेचो एक आदार म्हणूनय तांचो ज्राय तसो वापर केला. मीना काकोडकार हांची गांयडोळ नांवाची एक स्वतंत्र कथाच आसा. कथेंतल्या दुबळ्या, भितऱ्या पंढरीक ताणीं ही गांयडोळाची उपमा दिल्या. गांयडोळाचें भायलें रूप पळयल्ल्या वाचकाक एखाद्रेवेळार मीना काकोडकरान आपले कथेंतल्या ह्या पात्राक गांयडोळाची दिल्ली उपमा समर्पक दिसल्या आसूं येता. पंढरी हें पात्र पळयत जाल्यार आनी गांयडोळ खरो कोण हें कळत जाल्यार कांय जाणांक गांयडोळाची उपमा पंढरीक दिल्ल्यान गांयडोळाची बदनामी जाल्या अशेंय दिसूं येता.

गांयडोळाचेर बरयता आसतना रवींद्र केळेकार म्हणटात –

हालिंसराक हांव गांयडोळाच्या मोगांत पडलां. पयलीं गांयडोळ दिश्टी पडनाफुडें आंग शिरशिरून येतालें. शी करून हांव कडेक सरतालों.

आतां तोखणायेन तांका नियाळपाक लागलां –

हो अशे तरेचो एक जीव की जो केन्ना न्हिदना. एक खीण लेगीत विसव घेना. एका सारको कामात गुल्ल आसता.

तो मरय ना म्हणपाचें भुरगेपणार आयकल्लें. मर्दीं कापलो जाल्यार एकाचे दोन गांयडोळ जातले - एक एके वाटेन वतलो, दुसरो दुसरे वाटेन वतलो अशें भुरगे सांगताले.

ताणीं तांगेल्या जाणटेल्यां कडल्यान आयकल्लें आसूंक जाय हें आनी जाणटेल्यांनी गांयडोळांची खोलायेन नियाळणी केल्ली आसूंक जाय. खरें फट, नकळ. पुणून तांगेली प्रतिष्ठा ही आशिल्ली, इतलें खरें.

आयज तांचेकडेन पळेतां तेन्ना सैमाचे रचणुकेचें कुवाडें सोडोवपाचो यत्न करतां.

गांयडोळ जल्मा येता त्या खिणापासून खंय तो एका सारको माती खायत रावता. एका सारकी माती खायत राविल्ल्यान ताका खंय मळ विसर्जना खातीर भोवन भोवन वयर येवंचें पडटा. दिसाक धा खेपे तो वयर येता आनी येवन एके वाटेन मळ विसर्जन करता तर दुसरे वाटेन आपणाक जाय तो प्राणवाय (ऑक्सिजेन) घेवन वता. येतना एक बीळ काडून येता, वतना दुसरें बीळ काडून वता.

बिळूच म्हणूंक जाय ताका. येदें-शें छिद्र आसलें म्हणून कितें जालें !

दोनूय बिळांमदलें अंतर एक दोन इंचा इतलेंच आसता. हाका लागून आमकां ताचें एक दोन इंचाचेंच आंग दिश्टी पडटा.

वयर येता तेन्ना तो भोंवतणी एक नदर मारून पळेता - लागसार खंयूय कावळो बी ना मू ? शेवणे ना मू ? ना म्हणपाचें खरेपण करून घेतकच तो वयर येता.

हे भाशेन तो दिसांतल्यान धा खेपे वयर येता आनी धा खेपे भितर वता. दर खेपेक दोन बिळां. ह्या हिसपान तो जमनीत दिसाक वीस बिळां काडटा म्हणूंक जाय.

जमीन बरी आसत - म्हळ्यार, खणिल्ली नासत, रासायनिक सान्यान भश्टल्ली नासत, विखाळ वखदांनी मेल्ली नासत आनी सारकी ओली आसत जाल्यार–

एक एकर जमनींत खंय चार लाख गांयडोळ आसुंकूच जाय. नासत जाल्यार जमीन सारकी ना अशें धरून चलूंक जाय.

आतां हिशोब लावन पळोवया –

एक गांयडोळ दिसाक वीस बिळां काडटा. जाल्यार चार लाख गांयडोळ कितलीं काडटले ?

अंयशीं लाख ही जाप मेळटली.

पावस धरूंया फकत तिनूच म्हयने पडलो जाल्यार जमनींत कितलीं बिळां जातलीं ?

८० लाख x ९० दीस = सात कोटी वीस लाख. म्हळ्यार, तीन म्हयन्यांत

जमीन छिद्राळ जाली. जाळये सारकी जाली. असले छिद्राळ जमनींत 'अेरेशन' बरें जातलें. निर्मळ वारो भितर जमनीत घोळपाक लागतलो. ताका लागून प्राणवाय (ओक्सिजेन) जमनींत भितरले भितर घोळटलो. जमीन 'स-जीव' जातली. तातूंत 'ह्यूपस' नांवाचें तत्व घोळपाक लागतलें. ओलसाण भितर धरून दवरपाची तिची तांक वाडटली.

जमनीक फकत शेंकड्याक तीस वांटे उदकाची गरज आसता. तितलेंच उदक जमनींत भितर धरून दवरलें जाल्यार शेंकड्याक सत्तर वांटे उदक जें आमी गरज नासतना शिंपतात तें वाटावतलें. जमीन छिद्राळ - म्हळ्यार, जाळये जाळयेची जाल्ल्यान ती खणपाची वेगळी गरज उरची ना. खणपाचो खर्च वाटावतलो.

गांयडोळ माती खातात आनी मळ विसर्जना वेळार आंगांतल्यान मातीच भायर उडयतात. ही माती खाल्ले आदले मातयेपरस - इतलेंच न्हय, तर खंयचेय सान्याचे मातये परस तत्वांनी अदीक गिरेस्त आसता - दुपेट कॅलशियम, दुपेट मग्नेशियम्, सात वाट्यांनी चड हायड्रोजेन, इकरा वाट्यांनी चड फोस्फरस, पाच वाट्यांनी चड पोटाश, तशी सात वाट्यांनी चड एकसिनो मायसेरस नांवाची बॅक्टेरिया इतलीं तत्वां हे मातयेंत आसतात.

ह्या तत्वांक लागून रोप्यांक रोग जायना. चुकून जालोच जाल्यार ताचे आड झुजपाची ताची शक्ती वाडिल्ली आसता.

जमनीत गांयडोळ आसतकूच –

१) जमीन खणची पडना (खणपाचें काम चार लाख गांयडोळूच करतात).

२) वेगळे सारें घालचें पडना. (एक एकर जमनींत गांयडोळ स टन सान्याची जमीन तयार करून दितात) आनी

३) शेंकड्याक तीस वांटे उदक ती सांठावण दवरता जाल्ल्यान शेंकड्याक सत्तर वांटे उदक वाटावता.

केदें व्हडलें योगदान हें गांयडोळाचें !

आनी मनशाचें ?

पाड पडूं ताचें...

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001044

रवींद्रबाबांची ही गांयडोळाकडेन पळोवपाची नदर आनी अर्थपूर्ण म्हायतो आमचें गांयडोळाविशीं आशिल्लें अज्ञान पयस करता. गांयडोळ क्षुल्लक,

हळशिकवाणो दिसलो तरी तो आमकां कितलो उपेगी तें कळून येता. आमचें गांयडोळाविशींचें अज्ञान पयस जाता.

पूण म्हजो मस्तो गांयडोळ आपूण मनीस जातीक आदार दिता हें खंयच सांगना. तें तांचें काम न्हय. कारण तो जाणटो गांयडोळ न्हय. धाकटो, भुरगो गांयडोळ, गुंडू. ताचें काम खेळपाचें. मस्ती करपाचें. आपली आवय माती मोव करूंक शिकयता तें शिकपाचें. हांगा गांयडोळाचें मानवीकरण जालां. गुंडूची भोंवडी वाचतल्याक ती गांयडोळाची भोंवडी दिसना. मनशाची दिसता. हळशिकावणो, क्षुल्लक थारायल्ल्या गांयडोळाचें उदात्ती करण करपाचो हो ल्हानसो प्रयोग.

राजहंसाच्या प्रभाकर भिडेन 'भुरग्यांचो राजहंस' सुरू केलो. 'अशांत सुशांता' उपरांत लोकांचे नदरेन निरूपयोगी पूण खऱ्या अर्थानं सगळ्या परस उपेगी अशा गांयडोळाक भुरग्यांचे भेटेक धाडपाचो निर्णय घेतलो. मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी राजहंसांतल्यान खिस्ती खिस्तीनी चलत रावली. ताचें हें एक पुस्तक जालें. 'अशांत सुशांता' प्रमाण ह्याय पुस्तकाचें श्रेय राजहंसाक वता.

म्हज्या अशांत सुशांता प्रमाणेच गुंडू गांयडोळाकूय वाचप्यांनी आपलो मानलो. हाचें इतलें सूख म्हाका खंयचें ?

आगशी १९९३ **दिलीप बोरकार**

# मस्त्या गुंडूची नस्ती भोंवडी

पावस पडून सगळ्याक उदक जाल्लें. जमनी भितरली माती लेगीत ओली जावन गेल्ली. थंडसाणेक लागून गांयडोळीणमामीचो जीव सामको थंडावल्लो. नातर मातशी मातशी थंडसाण मातशी गरमी हाका लागून तिचो जीव सामको तणीक लागतालो. आपलें एक सोड, एकटी आशिल्ली जाल्यार ती खंयीय थंडसाण आसा थंय वचून आपलो जीव घालूंक शकताली. पूण आतां तिच्या सांगाताक गुंडू आशिल्लो. हालींच जाल्ल्या तिगां पोरांतलो होच एक पोर वाचून उरिल्लो. बाकिचीं दोगां जाणां केन्ना मातयेंतल्यान वयर सरलीं आनी धर्तरिवेल्यांच्या भकीक पडलीं हें तिका कळ्ळेंच ना. तेच खातीर गांयडोळमामी गुंडूक दोळ्यांत तेल घालून राखताली ताची जतनाय घेताली.

गुंडू जात्याच मस्तो आनी अवजाळी आशिल्लो. थंड, थंड, मोव ..... मोव मातयेंत लोळत आसतालो. आपली आवय मातयेंत आपलें तोंड रिगयता तशें आपुणूय रिगोवपाचो यत्न करतालो. तिच्या वांगडा आपुणूय सरपट्टालो. केन्ना

केन्ना आवय जमीन मोव करीत करीत खूप मुखार पावताली. पूण तिचें सगळें लक्ष आपल्या गुंडूचेर आसतालें. गुंडून मातयेंत सरळ चलचें, वयलेवटेन वचचें न्हय हाची शिकवण ती दिसपूटटी ताका दिताली. आपलें आयकनासतना तो जर वयले वटेन तकली रिगोवंक लागलो तर ताका धरून सर्रर्र करून सकयल ओडटाली. मागीर गुंडू तकली मातयेंत रिगोवन हिमट्या हिमट्यांनी रडटालो.

'तूं म्हाका अशी वयर कित्याक वचूंक दिना ?'

एक दीस गुंडून तिडकीन आपले आवयक, गांयडोळ मामीक विचारलें.

'वयर दोन पायांचीं कों भोंवतात. तुका पळयले बराबर तीं तुका मटक करतलीं. वयर वचूं नाका रे म्हज्या शाण्या.'

गांयडोळमामीन गुंडूक समजायलो. पूण गुंडू खंय आयकता ! ताका वयर आशिल्ल्या दोन पांयांच्या त्या कों क पळोंवपाची उमळशीक लागली. पूण मामी ताचे वयलें शितीद कशीच कुशीक काडिनाशिल्ली. तो अवजाळी आपली नदर चुकोवन वयर कूस मारतलोच अशें तिका भोवन भोवन दिसतालें. त्याच विचारांनी तिचो जीव वयर सकयल जातालो.

एक दीस गांयडोळमामी माती पोखरूंक सामकी गुल्ल जाल्ली. खुपशी माती तिणें भुसभुशीत केल्ली. त्याच बोवाळांत तिचें शितीद गुंडू वेल्यान खीणभर पयस जालें. गुंडू मातयेक बुराक करीत वयर केन्ना पावलो तेंच तिका कळ्ळें ना. हांगा थंय पळयल्यार गुंडू खंयच ना. तिचेर सामको आकांत आयलो. आंग सामकें ताणोवन तिणें पळयलें तर गुंडूचे शेपडेचो मोव मोव कुडको तिचे नदरेक पडलो. वेळ घालय नासतना तिणें तें पोंत तोंडांत धरलें आनी ताका सरसरीत सकयल ओडलो. गुंडूच्या नाजूक आंगाक दूख लागतलीं म्हणपाचें लेगीत तिका येवजलेंना. गुंडू आनीक मातसो वयर गेल्लो जाल्यार ताचो कुडको लेगीत तिच्या हाताक लागपा नाशिल्लो. वयर सावन कों चो कों ऽ क कोंक असो आवाज तिच्या कानार येतालो.

आपले आवयन आपल्याक दयामाया दाखयनासतना सरसरीत सकयल ओडलो तें पळोवन गुंडून हुयेल मारली. आपलें आंग दुखलें हाचे परस आवयन आपल्याक अशे रितीन ओडून काडलो हाचेंच ताका चड दूख जाल्लें.

काय बरो तो वयर पाविल्लो. बुरखांतल्यान मातशी तकली वयर काडून ताणें मातयेंतल्यान भायर पळयलें. भायर सामको चकचकीत उजवाड आशिल्लो.



सगळ्याक पांचवेंच आशिल्लें. वयर व्हडले व्हडले कोण तरी भोंवताले. ताका तें सगळें पळोवन बरें ऽऽ दिसलें. नातर तो रावतालो थंय सगळो काळोखूच काळोख आनी चीकचीक ! ताणें मातशें वयर पळयल्लें हरशीं, पूण कितलें बरें दिशिल्लें ताका ! पूण ताचे आवयन तें सूख खिणभर लेगीत ताका घेवंक दिलेंना. ताका रोखडोच ओडून सकयल घेतलो.

'ही आनी एक आसा. तिका काळखांत आनी चिखलांत रावपांतूच सूख.'

गुंडूक आवयची तिडक मारली.

गांयडोळ मामीन गुंडूक परतून समजायलो. परतून जर वयर वचत तर गांयडोळमामाक सांजे येतकच सांगपाचो भंय घालो. गांयडोळमामाच्या म्हळ्यार गुंडूच्या बापायच्या भंयान गुंडू ओगीच रावलो. कित्याक तर तो सामको रागीश्ट आशिल्लो. गुंडूक मेळटा थंय रागान घास मारतालो. देखून गुंडू ताका थर्त भियेतालो. तरी लेगीत आपूण सगळ्यांची नदर चुकोवन वयर उजवाडाकडेन वतलोंच असो गुंडून निश्चेव केलो. तो ते संदीची वाट पळयत रावलो. आनी एक दीस ताका ती मेळळीय !

गांयडोळमाम सदचे भशेन माती मोव करूंक गेलो. गांयडोळमामी लागींच माती मोव करीत रावली. तिणें मातयेंत तकली मुंगरल्या हें गुंडून पळयलें. उजवांडाकडेन वचपाचो ताचो हावेस जागवलो. पयलींच करून दवरिल्ल्या बुराकांतल्यान तो वयर सरपटूंक लागलो. सर सर करीत ताणें धर्तरे भायर तकली हाडली. तकली वयर काडून सरभोंवतणीं पळयता थंय आस्सा, ताच्या म्हंन्यांतूच कोंक, कोंक, असो कान किटोवपी आवाज जालो. त्याच वांगडा पीं पीं पींक पींक असो धाकट्या कों चोय आवाज ताणें आयकलो.

गुंडून अजापान त्या कों कडेन पळयलें. आपली आवय ज्या कों ची आपल्याक भंय घालता ती कों हीच म्हणपाचें ताका कळ्ळें. ती आपल्या कितल्या तरी पिलांक घेवन कोंक कोंक करीत जमनी वयली माती फसाफसा कुशीक काडटाली. तिचीं पिलांय तोडांतल्यान पीं पीं पींक पींक करीत आवयवरींच माती कुशीक काडटालीं. मदींच तोंड मातयेर आपटितालीं. मातयेंत जें मेळटा तें खातालीं. गुंडूक भंय दिसलो. कों चें तोंड खूप व्हडलें आशिल्लें. आपूण तिच्या एकाच धपक्यान मरतलों अशें ताका दिसलें. तरीयपूण तो धिटायेन तांची मजा पळयत रावलो. कों लागीं आयल्या बराबर आपूण रोकडोच सकयल सरतलों अशें चिंतून गुंडू तांची मजा पळयत रावलो.

कों ची पीं हांगा थंय धावतालीं. ती एक मेकांच्या तोंडांतलें ओडून खातालीं गुंडूक दिसलें आपल्याय वांगडा असलींच आपलींशीं भाव - भयणां आसूंक जाय आसलीं ! तोय मागीर असोच आपल्या भावाक जांव भयणीक माती मोव करून दिवपाचो. तांचे वांगडा खेळपाचो. गुंडू आपल्या सपनांत दंग जालो. सपनां रंगयतां रंगयतां तो कों क विसल्लो. तांचो भंय विसल्लो. आपूण खंय आसा तेंय विसल्लो. इतल्यांत कों चो कोंक कोंक आवाज सामको ताच्या म्हन्यांत आयकूंक आयलो आनी तो भानार आयलो. आंग काडून ताणें नदर वयर केली. तर माथ्थावयर कों उबी आनी भोंवतणीं तिगेलीं पीं ! कितें करचें हें चितचे पयलींच कों ची चोंच गुंडूचे वटेन सकयल आयली. जिवाच्या आकांतान गुंडून सकयल सरकपाचो यत्न केलो. पूण भंयान थतर वितर, कांचाबूल जाल्लो गुंडू सकयल सरूंक पावलोच ना. सकयल वचपाचो यत्न करतानाच तो वयर कोंच्या तोंडाकडेन पळयतालो. असलें तोंड ताणे ह्या पयलीं पळोवंकच नाशिल्लें. कोंक कोंक करीत तें सरळ गुंडूचेर आपटलें आनी कितें घडटा हें कळचे पयलींच गुंडू ते

चोंचीत फारकलो. कों न ताका सरपटायत जमनिंतल्यान वयर काडलो, दया माया दाखयनासतना.

गुंडूक आपले आवयची याद जाली. तो मातयेतल्यान वयर सरता देखून तिणेंय तिका असोच सकयल ओडिल्लो. तेन्नाय ताका दुखलेलें. पूण त्या ओडपांत माया आशिल्ली. अशें दुखूंक नाशिल्लें. तेन्ना ताका आवयचे यादीन रडूंक आयलें. पूण आतां उपाय नाशिल्लो. तो आतां दुस्मानाचे तावडींत सांपडिल्लो. तातुंतल्यान सुटल्यारूच आता तो आपले आवयक पळोवंक पावपाचो. पूण कों चे ते चोंचीतल्यान सुटप म्हळ्यार व्हडलें अजाप आसपाचें ! तिच्या एकाच धपक्यान तो तर अर्द मेल्लो जावन गेल्लो.

आपले आवंयन मातयेंतल्यान कितें तरी चोंच मारून वयर काडलां म्हणपाचें सगळ्या पीं नी पळयलें. आपल्या नकसूद दोक्यांनी माती उस्तुवपाचें काम तीं करतालीं. तें काम अदर्यार तशेंच उडोवन तीं एकदम पींक ऽ पी ऽऽ क पींक करीत आवय म्हऱ्यांत धांवलीं. तांकांय म्हण तें माती उस्तुवप जमनाशिल्लें. शिवाय ती उस्तुवपाक तांका उबगणूय येताली. आवय सांगता आनी करून

दाखयता म्हूण तीं बेश्टींच आपल्या दोनूय पायांनी माती उस्तितालीं आनी आवय जशी जमनीर चोंच मारता तशीं आपुणूय मारतालीं. पूण तांचे चोंचीत कांय एक पडनाशिल्लें.

धाकटें पीं सामकें अवजाळी आनी अरवळ आशिल्लें. जमनीर चोंच मारले बराबर जें कितें चोंचींत येता ते खातालें. तो शिताचो गोटो, फातर काय किडो हें लेगीत कळनाशिल्लें. हाकाच लागून ताच्या तोंडांत चडशी मातीच वताली. मागीर तें थू थू करून ती माती, फातर सकयल उडोवन आवय म्हऱ्यांत वचून तिच्या पाखांनी लिपतालें.

त्या मानान व्हडलीं चोवगांय पीं मातशीं शाणीं जाल्लीं. धाकटया परस तीं मातशीं पयलीं तांतयांतल्यान भायर सरिल्लीं. तांकां कितें खावप आनी कितें ना तें कळटालें. त्याभायर तांचे चोंचींक आतां मातशी घटसाण आयिल्ली. हाकाच लागून कों तांचे परस धाकटुल्याचेर चड नदर दवरताली. धाकटुलें जल्माक येतलें काय ना हाचोच तिका हुस्को आशिल्लो. सदचे परस चड वेळ लागिल्ल्यान ती सामकी चिंतेस्त जाल्ली. शेवटाक धाकलें तांतयांतल्यान भायर आयलें आनी तिका सू जालें. तरीयपूण तें जात्याच हेरांच्या मानान सामकें दुबळें आशिल्ल्यान कोंक ताचेकडेन चडूच लक्ष दिवंचें लागतालें.

चोंच मारून गुंडूक वयर काडटनां गुंडू परतून भितर वचूंक यत्न करता म्हणपाचें कों चे चोंचीक जाणवलें. तिणें ताचेवयलीं पकड मातशी घट करून ताका तुटूंक दिनासतना अचळय वयर काडलो. ही असली खावड तिका भोवच मानवताली आनी रूचीकय बरी लागताली. गुंडूक वयर काडटा आसतना ताका भुरग्यांचे नदरेक घाली नासतना मटक करचो अशेंय दिसून तिचे चोंचीक उदक सुटलें. पूण भुरग्यांचें तोंड पळोवन तिणें फक्त सुको आंवडो गिळळो आनी चोंचींत वळवळपी त्या जिवाक सकयल उडयलो.

कों च्या तोंडांतल्यान सकयल पडटांच गुंडूक आपल्या जिवाची मातशी आस दिसली. आपूण आता सरळ कों च्या पोटांत वतलों अशें ताका कों न चोंच मारले बराबर दिशिल्लें. पूण आपल्याक गिळपाच्या बदला परत जमनीर उडयलें देखून तो अजापलो. आपूण भुरगो देखून आपल्याक तिणें गिळचो सोडला आसतलो अशें दिसून ताका बरें दिसलें. आपल्या आंगावयली दूख तो खीणभर विसरलो आनी वळवळत मातयेंत रिगपाचो यत्न करूंक लागलो. ताणें मातयेंत तोंड

मुगरलां मात कों न ताचेर परतून ल्हव पीक चोंच मारली. ताका मातयेंतल्यान वयर काडलो. चोंचीत धरून खसाखसा फाफुडलो आनी परतून सोडून दिलो. गुंडूचें आंग सामकें सदळ जालें. तरीय जमनीर पडले बराबर ताणें परतून मातयेंत मुंगरपाचें काम चालू दवरलें.

आपले आवयन मातयेंतलें कितेंतरी काडलां आनी तें ती फाफुडटा हें सगल्या पीं नी पळयलें. माती उस्तुपाचें काम सोडून व्हडलीं चोवगांय आपले आवय म्हऱ्यांत धांवून आयलीं. पींक पींक करीत तांणी गुंडू भोंवतणी कोंडाळें केलें आनी गुंडूचेर सुसेग धरिनासतना आपल्यो माणकुल्यो चोंची मारपाक सुरवात केली. कों मात फक्त कोंक कोंक करीत मोठ्यान आवाज करताली आनी चारूय वाटांनी नदर मारताली. धाकटुलें अजून एका रूखा मुळांत पिशें कशें एकटेंच माती उस्तिता तें पळोवन तिणें कों ऽ ऽ क करून सदचे परस वेगळो आवाज काडलो आनी त्या आवाजा वांगडाच धाकटुल्यान आपलें काम थांबयलें. पीं पी करीत, धतरिक हय न्हय शे पांय लायत मातशें उडतच तें आवय म्हऱ्यांत धांवून आयलें. तशें करतना तें एक दोन फावट झडपल्लेवरी मातयेंत लंवडलेंय बी.

धाकटुल्यान आवय म्हऱ्यांत येवन आपल्या व्हडल्या भांवडांकडेन पळयलें. तीं चोवगांय आवयन वयर काडिल्ल्या गुंडू वांगडा खेळटालीं. तीं खेळटात काय ताका खातात तें ताका कळना जालें. एकलें ताका चोंच मारून तोंडांत घेवन पयस धांवतालें. ते बराबर बाकिचीं पीं पीं करीत ताच्या फाटल्यान धांवतालीं. ताणें चोंचीतल्यान ताका जमनीर दवरल्या बराबर दुसरें ताचेर चोंच मारून उखलतालें. आनी दुसरेच सुवातेर धांव मारतालें. तें ताका खावंक चोंच मारचे पयलींच तिसरें येवन ताका उखलतालें आनी भलतेच कडेन धांव मारतालें.

धाकटुल्याक तांचो हो खेळ बरो ऽऽ दिसलो. ताकाय तांचे वांगडा खेळचें अशें दिसलें. तें आवयच्या पांखां पोंदच्यान भायर सरलें आनी धावन आपल्या भयणां म्हऱ्यांत गेलें. त्या गुंडूखातीर दोगां पीं मदीं आतां झगडीं चलतालीं. दोगांय जाणां पाखां फुलोवन एकमेकाचेर झुडून वतालीं. गुंडू बाबडो जमनीर पडून वळवळटालो. ताचें पुराय आंग सामकें दुखून गेल्लें. आंगार कांयकडेन खरचटून तातुंतल्यान मातशें रगतूय येतालें. तरीयपूण हीं माणकुलीं पीं आपल्याक तोंडांत घेवन धांवतात तें पळोवन ताका बरें ऽऽ दिसतालें. ताणीं मारिल्ल्यो चोंची ताका दुखनाशिल्ल्यो. फकत ताका खातखुतल्यो जाताल्यो.

तांचे चोंचींचो ताका भंय दिसनाशिल्लो. कों लागी येत जाल्यारूच ताका भिरांत आशिल्ली. आपल्याक मातयेंत उडोवन सगळीं पीं झगडटात तें पळोवन गुंडूक हांसूंक येवंक लागलें. तांकां पळयत पळयत, आवाज करिनासतना ताणें आपलें आंग हालोवंक सुरवात केली. तांकां सुलूस लागनासतना मातयेंत घुसपाखातीर ताणें जमनीक बुराक मारूंक सुरवात केली. इतल्यांत धाकटुलें पीं खंयच्यान तरी धांवत आयलें. आपलीं भांवडां झगडटात हाची संद घेवन ताणें गुंडूक अळंग उखल्लो आनी एकाच नेटान ताका घेवन तें धावत आपले आवय म्हऱ्यांत आयलें.

कों माती उस्तून मातयेंतल्यान आनीक कितें मेळटा काय म्हण पळयताली. मदींच सरभोंवतणी नदर मारून कोणूय दुस्मान आपल्या पिलांक बी व्हरूंक येत म्हण पारो करताली. रूखावयल्या त्या काळेल्या कां क ती मात लेगीत पातयेनाशिल्ली. बेश्टोच झोंपय मारपाचो तो यत्न करतालो आनी ताची फाट घेवन ताका धांवडावन घालता म्हणसर तिका खरस मारताली. एकल्या पोराक एक दीस तो असोच घेवन गेल्लो. तेन्ना ताच्या तोंडांतल्यान ताका परत

हाडटासर तिका नाका शेवट जाल्लो.

धाकटुलें आपल्याक घेवन धांवता तें पळोवन गुंडूक बरें दिसलें. तो अचळय वाऱ्यार हुबतालो. मायेन उखलून धरचें तशें धाकटुल्यान ताका उखलून धरिल्लो. ताकाय तें वयलेवयर भोंवप आवडूंक लागिल्लें. पूण धाकलें जेन्ना ताका घेवन कों म्हऱ्यात गेलें तेन्ना मात ताचेर आकांत आयलो. आतां कों आपल्याक गिळ्ळेबगर रावना अशें ताका दिसलें.

धाकटुल्यान गुंडूक व्हरून कों मुखार दवरलें. कों धाकटुल्याक मायेन आनी अपुरबायेन पळयताली. जांव, हें धाकटुलें व्हडलेंशें कांयच खांयना. हो तरी नाजूक जीव ताच्या पोटांत वचूं दी म्हण तीय आपलें काम करीत रावली. बाकिचीं चोवगांय झगडीं थांबोवन आतां धाकटुल्या म्हऱ्यांत धांवन आयलीं. आपल्या झगड्यांमदीं धाकटुल्यान फायदो मारलो म्हणपाचें तांका कळ्ळें. गुंडूचो इल्लो तरी कुडको आपल्या तोंडांत पडचो म्हूण तीं यत्न करतालीं. पूण तीं लागीं येताच कों न तांकां धपकायलीं.

'तो तुमकां न्हय. तुमी आतां व्हडलीं जाल्यांत. दुसरें कितेंय खायात. तें बाबडें अशक्त आसा. ताकां खावंदी तो !'

कोंचें उलोवणें आयकून गुंडू थर्त भियेलो. म्हणचे हें धाकटुलें आपले वांगडा खेळनाशिल्लें. आपल्याक खावपाखातीर घेवन धांवतालें तर ! ताका धाकटुल्याचो राग मारलो. ताची भयान सामकी गुळी जाली. आतां आपली ह्या भोगणारांतल्यान सुटका ना हें कळून ताका रडूंक आयलें. इतलो वेळ तो ह्या खेळाचे मौजेक लागून आपल्या जिवाचो भंय विसरिल्लो. आपले आवयक विसरून गेल्लो. पूण कों न ताका खावंदी म्हळे बराबर ताका सत्य स्थितीची जाणविकाय आयली. तो ते भुंयेर आता एकटो आंशिल्लो. ताका खावपाचे आशेन पळोवपी पांच दुस्मान ताचे भोंवतणी आशिल्ले. कों तर ताणें मातयेंत वचचें न्हय आनी धाकटुल्या पींक तो खावंक मेळचो म्हण दोळ्यांत तेल घालून ताका पळयताली. आपलें जिवीत आतां सोंपलें अशें ताका दिसलें. धाकटुल्या पीं विशीं लेगीत ताका आता मोग दिसना जालो. धाकलें जांव व्हडलें. शेवटीं आपलो दुस्मानूच हें ताका कळ्ळें.

कों व्हडल्या चोवगांकूय फकाणाचो भंय दाखोवपाखातीर बेश्टीच चोंच मारून तांकां पयस धांवडायताली. धाकटुलें आतां गुंडूक खेळोवपा बदला खावपाची

तयारी करतालें.

'हो बलो ऽऽ मोव मोव. तो म्हाका खावपा जायो' अशें म्हणत ताणें आवयकडेन रडणें धरिल्लें आनी आवयनूय आयकून व्हडल्या भुरग्यांक दुसरे कडेन धांवडावन घाल्लें. तांचें उलोवप आयकून गुंडू गर्भगळीत जावन आपल्या मरणाची वाट पळयत आशिल्लो.

गुंडून दुखेस्त दोळ्यांनी धाकटुल्याकडेन पळयलें. ताची काकुटेची नदर आतां धाकटुल्याक दिसनाशिल्ली. धाकटुल्याची भुकेल्ली नदर मात गुंडूक दिसताली. ताची चोंच गुंडूचे वाटेन येवंक लागली. गुंडू आतां भियेलो. ताणें आवयची आनी आपल्या देवाची याद केली. आपले दोळे घट्ट धांपून घेतले. धाकटुलें आपल्याक गिळपाची वाट पळयत तो थंयच पडून रावलो.

कोंक कोंक कोंक कों ऽऽऽ गुंडून कों चो भिरांकूळ आवाज आयकलो. तिणें फाफुडलेल्या पाखांचो वारो आनी त्या वाऱ्यान उबिल्ली माती ताका लागली. वांगडाच सगल्या पीं नी एकदम आकांतान पीं पीं करून बोवाळ केलो. कितें जालां हें पळोवपाखातीर गुंडून दोळे उक्ते केले जाल्यार ताका कांयच कळना

जालें. इतल्यांत कों सारकेंच पूण पीं येदें कोण तरी चीं चीं करीत ताचेवटेन आयलें. कितें घडटा हें कळचे आदींच ताणें गुंडूक चोंचीत घेतलो आनी कळाव लायनासतना एकाच नेटान वयर उखल्लो. जेन्ना पीं ताका चोंचीत घेवन हांगा थंय धांवतालीं तेन्ना चोंचीत आसून लेगीत तो हालतालो. आतांय तो चोंचीत आशिल्लो पूण ही चोंच कों आनी पीं सारकी नाशिल्ली. ताच्या आंगाक धसकेय बसनाशिल्ले. तो सारको वाऱ्यार हुबतालो.

गुंडून दोळे उक्ते करून पळयलें. ताका पीं खंयच दिश्टी पडनाशिल्लीं. कों मात ताचे फाटल्यान पाखां हालयत कोंक कोंक करीत थोडो वेळ आयली आनी मागीर नांच जाली. गुंडू जमनीपासून, मातयेपासून वयर वयर वचूंक लागलो. ताचे नदरेक आतां खंयच माती म्हणटात ती दिसनाशिल्ली. आंगाक खूप थंडसाण लागताली आनी दोळ्यांक वेगळोच पांचवो रंग दिश्टी पडटालो.

गुंडूक हो अणभव नवोच आशिल्ल्यान कितें करचें हें ताका कळना जालें. तो तसोच ते चोंचीत पडून रावलो. कितें घडटा तें पळोवपा बगर ताचेकडेन दुसरो उपायूच नाशिल्लो. तरीय ताणें आपले कान आनी दोळे जमनीकडेन लावपाचो यत्न केलो. कोंक कोंक कों कों ऽऽ कोंक असो भिरांकूळ आवाज पयस सावन गुंडूक आयकूंक येतालो. ताच्या माणकुल्या दोळ्यांक कों ताचे फाटल्यान येता म्हणपाचें हय न्हय शें दिसल्या उपरांत कों आनी ताचो तो भिरांकूळ आवाज नांच जालो.

गुंडू जणकाय वाऱ्यार हुबतालो. ताणें आपली सोडणूक करपाखातीर आपलो जीव मातसो हालयलो. तरी ताका तातुंतल्यान सुटचें अशें दिसना जालें. कारण तो जर ह्या चीं च्या तोंडांतल्यान सुटलो जाल्यार परतून कों आनी पीं च्या तोंडांत पडपाचो. आनी पीं तर आतां ताका मात लेगीत वेळ दी नासतना मटक करून गिळून उडोवपाचीं ! कारण ताणें बरोच वेळ कों चें आनी पीं चें उलोवप आयकल्लें. ताका जाता तितलें कों पासून पयस वचपाचें आशिल्लें. ताका आपले शक्तिची जाणविकाय आशिल्ली. जमनीर आपूण कितलोय वळ्वळ्ळों, कितलोय धडपडलों तरीय मातयेंत बुराक करून आपलो जीव वाटावंक शकना म्हणपाचें ताका खबर आशिल्लें. थोडो यत्न करता म्हणसर कों आनी तिगेलीं पीं ताका ओडून वयर काडटात म्हणपाचो ताणें अणभव घेतिल्लो. हो गुंडू आपलो जीव वाचोवंक सोदता हेंय तांकां सगल्यांक कळिल्लें. तेच खातीर कों न धाकट्या

पीं क ताका बेगीन खावन उडय म्हण सांगिल्लेंय बी. फक्त ऐन वेळार चीं आयिल्लें म्हणुनूच गुंडू माणकुल्या पीं च्या पोटांत वचनासतना उरिल्लो.

आपूण वाऱ्यार उबतां म्हणपाचें गुंडूक कळटालें. पीं च्या तोंडांत आसतनाय तो धतरेपासून वयर आशिल्लो. पूण वाऱ्यार आसतनाय आपूण धतरेपासून चड पयस ना म्हणपाचें तांका आपल्या आंगाक बसपी धक्क्यांक लागून भावतालें. पूण आतां-पीं चे चोंचींत आसून लेगीत आपूण जमनीपासून खूब वयर आसां आनी तिचे चोंचीतल्यान सुटलों जाल्यार सकयल नाका थंय पडटलों हें ताका कळटालें.

आपल्याक उखलून व्हरपी हें चीं आपल्याक व्हरता तें कों च्या तोंडांतल्यान आपलो जीव वाचोवंक न्हय तर कों वरींच खावपाखातीर म्हणपाचें ताका समजतालें. आपणें आवयचें सांगणें आयकनासतना आपलें जमनी पोंदचें घर सोडलें तेन्नाच आपल्या मरणाक आपणें येवकार दिलो हाची खातरी ताका जाल्ली. आपलें मरण आपल्याक आतां कशेंच चुकपाचें ना हें ताका कळिल्लें. फक्त जितो आसा सर मरण टाळपाचो यत्न करप हेंच तो जाणां आशिल्लो. आपूण आतां चीं च्या तोंडांत आसां तरीय चीं न आपल्याक मटक करूंक ना म्हणचेच तें म्हाका आनीक खंय तरी व्हरता हें गुंडूक कळळें. भंयान आपणें वळवळपाक सुरवात केली वा ताचे चोंचींतल्यान सुटपाचो यत्न केलो जाल्यार आपूण भलतेच कडेन खंयतरी पडटलों वा कोणाच्या तरी तोंडांत पडून गरजेभायर जीव होगडावन बसतलों हें ताकां होलमतालें. ताचीं शाणेपणां कितें घडटा तें पळयत बसपांतच आशिल्लीं.

गुंडून आतां वळवळप सोडून दिलें. तो पाळण्यांत बशिल्लेवरी ओगीच बसून रावलो. ताचे नदरेन आतां चीं ची चोंच आनी ताचें उडप म्हळ्यार मॅरी गो राऊंड चें चक्रच आशिल्लें. चीं ताका घेवन वयर वतालें आनी परतून सकयल येतालें. मदींच वाट्कुळेंच घुंवतालें. परतून वयर वतालें. जाल्यार रोखडेंच परतून सकयल येतालें. अकस्मात सकयल येतना गुंडूच्या काळजांत धडधडटालें. तरी लेगीत ताणें तशेंच वयर सकयल उडत रावचें अशें गुंडूक दिसतालें. हे मजेशीर भोंवडेंत तो आपल्या मरणाचो भंय विसरलो. मरणाच्या भंयापरस हीच मजा ताका चड सूख दिताली. चीं न अशेंच आपल्याक चोंचींत धरून सगलो तेंप भोंवत रावचें अशें ताका दिसलें. तो भोंवडेंत सर्गीचें सूख भोगतालो. ना जाल्यार जल्मासावन

तो तेच मातयेंत लोळत आशिल्लो. ताचो संवसार, ताचें सूख म्हळ्यार तीच माती आनी ते मातयेंतलें तेंच मुंगरप जावन गेल्लें.

चीं चें उडप बऱ्याच वेळान थांबलें. आनी गुंडू भानार आयलो. ताका इतलो वेळ कांयच दिसनाशिल्लें. तो हवेंत हुबतना हांगा थंय पळोवपाचो यत्न करतालो. पयलीं ताका थोडो वेळ पांचवें पांचवें कितें तरी दिसलें आनी ऊपरांत सगल्याक निळें निळेंच. ताची तांबडी काळी माती खंयच दिसना जाली. आपली माती ना म्हणटकच दोळे उकते दवरून उपेग कितें ? अशें चिंतून ताणें आपले दोळेय बंद केल्ले. दोळे बंद करून आपलें आंग सकयल वता, वयर येता, केन्ना केन्नाय वाटकुळें घुंवता हाचो अणभव ताणें घेतिल्लो. जेन्ना ताचें हें पीस कशें उबप थांबलें तेन्ना ताच्या कानार चूं चूं अशे नाजूक, गोड आवाज पडले.

भीत, भीत मातशा अजापान गुंडून दोळे हय न्हय शे उकते केले. त्या बराबर ताच्या दोळ्यांत पांचवोत रंग भरलो. सगले कडेन पांचवें पांचवेंच आशिल्लें. ताका हो पाचवो रंग अनवळखी नाशिल्लो. एकदां तो असोच मातयेंतल्यान वयर आयिल्लो. आवय भंय घालता देखून तकली चड वयर काडिनासतना ताणें

मातयेवयर पळयिल्लें. जाल्यार होच रंग शेकान शेक पातळिल्लो ताका दिसतालो. ताची माती आनी हो रंग सामको एकमेकाक तेंकून आशिल्लो. आतां तसलोच रंग तो पळयतालो. पूण ताची अपुरबायेची माती खंयच ताका दिसनाशिल्ली. ताचे खातीर ही एक नविदादूच जाल्ली.

गुंडून आतां आपले दोळे पुरायेन उकते केले. ताच्या दोळ्यामुखार चीं ची काळशी चकचकीत चोंच दिसताली. तेच चोंचीत तो हुमकळटालो: लागींच ताच्या कानाकडेन चूं चूं असो नाजूक सूर येतालो. कों चीं जशीं पीं आशिल्लीं तशीं ह्या चीं चीं हीं चूं असो अदमास गुंडून काडलो. तांकां पळोवपा खातीर ताणें आपलें आंग घुंवडायलें. पूण चीं न ताका घट्ट धरिल्ल्यान ताका चूं क पळोवंक गावलेंना. फकत तांचो आवाज आनी उलोवप आयकूंक येतालें.

सगलीं चूं एकाच ताळ्यान 'मामी, मामी, माम, माम' अशें आड्डतालीं.

चीं नूय आपल्याक उबारून हाडला तो आपल्या चूं क माम करपाखातीर हो आपणें केल्लो अदमास खरो आसा म्हणपाचें गुंडूक कळळें. सगळेच आपल्या जिवाचेर उठल्यात हें पळोवन ताका खूब्ब वायट दिसलें. ताका हिमट्या हिमट्यांनी रडूंक येवंक लागलें. पूण हो वेळ रडपाचो नाशिल्लो. रडत बसल्यार ताका वाचोवपाखातीर धांवन येवंक ताची गांयडोळमामीय नासली. आनी गांयडोळमामूय नासलो. आसलो तो एकलोच गुंडू. आपले आवयचें सांगणें म्हणणें आयकनासतना जमनींतल्यान भायर आयिल्लो. आतां ताका कितें करपाचें आसलें तें एकट्यानूच. जीव वाचोवंक जाय जाल्यार एकट्यानूच धडपड करूंक जाय आशिल्ली.

गुंडूक चीं न आता आपले चोंचीतल्यान सकयल दवरलो. आपली माती आपल्या आंगाक लागतली अशें गुंडूक दिसलें. पूण थंय तसलें कांयच नाशिल्लें. हो प्रकार वेगळोच आशिल्लो. ताणें तें चीं चें घर म्हणपाचें वळखलें. तें मातयेपरस खुपूच गरम आशिल्लें. थंयचे ते गरमेन गुंडूक रावं नज जावंक लागलें. तरी लेगीत चीं न आपल्या चूं खातीर तें केल्लें मोव मोव घर ताका बरें ऽ दिसलें. त्या वाटकुळ्याच घरांत तीं माणकुलींच चूं सोबून दिसतालीं.

गुंडून तांकां मेजपाक सुरवात केली. तीं कों च्या पीं परस दोन आकड्यांनी उणीं आशिल्लीं. दिसपाकूय पीं परस बारीक आशिल्लीं. तांची चोंचूय पीं चे चोंची परस बारीक आशिल्ली. पीं हांगा थंय मातयेंत धांवतालीं. पूण हीं चूं इतलो वगत

एकेच सुवातेर बसून फकत चूं चूं करतालीं. तांच्या घरांतल्यान सकयल पडत म्हण हालूं नाकात अशें तांचे मामीन तांका सांगला आसतलें !

'मामीचें आयकात आं ! नाजाल्यार म्हजेसारकी गत जातली.'

गुंडूक तांका अणभवाचे बोल सांगचे अशें दिसलें. पूण पीं कितें आनी चूं कितें, आपल्याक हीं खावपाकूच सोदतात ! ह्या विचारांनी गुंडूक उतरांच फुटनां जालीं.

ताका फकत आतां आपलो जीव वाटावपाचो आशिल्लो. चोंचींतल्यान सकयल देंवतांच गुंडून हालचालीक सुरवात केली. चूं न खावंचे पयलीं ताका खंयचेय भाशेन सकयल वचपाचें आशिल्लें. आतां ताका सकयल पडपाचो भंय दिसनाशिल्लो. खंयीय पडल्यार तो आपले मातयेंतच पडपाचो. ही माती आनी ती माती ! शेवटीं कितेंय जालें तरी आपलीच माती. एकदां मातयेंत पावलो म्हणटकच कितें करचें हाचेर विचार करूं येतालें.

चीं आतां चीं चीं करीत आपल्या माणकुल्या चूं क आपले चोंचीन बरें ऽऽऽ करतालें. तींय चूं चूं पींप करीत शाऽऽणी कशीं बशिल्लीं आनी आपलीं नवीं नवीं पाखां हालयतालीं. मदींच चूं चूं चूं करीत एकदम आपलीं तोडां उकतीं करतालीं. चीं गुंडूंक आपले चोंचीत घेवन अळंग त्या घोटेरांत देंविल्लें तेन्नाय ताणीं अशेंच केल्लें. गुंडून वयल्यानूच तीं उकतीं तोंडां पळयल्लीं. तांबडीं तांबडींच तीन तोंडां ताचे मातये परस चड तांबडीं. गुंडून एक दीस मातयेंत पडलेलीं असलींच फुलां पळयल्लीं. हीं इतलीं नाजूक तोंडां आपल्याक खातलीं हें चितून तेय अवस्तेंत गुंडूक हांसपाक आयलें. आपलो जीव जर वचपाचो नाशिल्लो जाल्यार तांच्या त्या सोबीत तोंडांत वचपाक गुंडून भोवच आवडटलें आशिल्लें !

चीं चें आपल्याकडेन लक्ष ना तें पळोवन गुंडू हळूहळू आपलें पोट ओडपाक लागलो. मुखार सरत सरत तो चीं च्या घोंटेराच्या माथ्यार पावलो. चीं चें हें घर वयर आसा हें ताका समजल्लें. एकदां त्या घरांतल्यान सकयल लंवडलो जाल्यार आपूण सामको सकयल वतलों हें ताका समजल्लें. कारण खंयीय गेल्यार ताका मातीच पळोवंक मेळटाली. हांगच्यान सुटलो म्हणटकच फुडलें फुडें..... अशें ताणें येवजिल्लें.

आतां तो सामको वयर घोंटेराचे तेंगशेर पावलो, मातसो लकले बराबर तो सकयल झूं ऽऽऽ जावपाचो. आवाज करिनासतना ताणें सरकटूंक सुरवात केली.

आतां तो वयल्यान सकयल घसरपाचो आशिल्लो. इतल्यांत चूं चूं नी एकदम चूं चूं चूं चूं करीत आकांत केलो. त्याबराबर चीं शादूर जालें आनी पुटूक करून उडी मारून सकयल पडपी गुंडूक ताणें आपले चोंचींत घट्ट धरलो. चूं च्या रडपाक लागून तांका भूक लागल्या हें गुंडूक कळ्ळें. भूक लागतकच तोय असोच रडटालो आनी ताची आवय ताका माती उसतून दिताली. आतां ह्या चूं क भूक लागल्या म्हणटकच तांचीय आवय तांकां खावपाक दितली हें थरलेलेंच आशिल्लें. तांचें खाण हें आपुणूच म्हणपाचें गुंडू जाणां आशिल्लो. आतां आपली सुटका ना म्हणपाचें ताका कळ्ळें. आपूण कों च्या तोंडांतल्यान सुटलों तें ह्या चीं च्या तोंडांत पडपाक हें तो समजलो. भंयान तो सामको कडकडलो.

चीं न गुंडूक आपले चोंचीत धरलो. फडफड करून आपली चोंच नेटान हालयली. तसो गुंडू कचकच करून हाल्लो. ताचें सगलें आंग सदळ जालें. आपूण आतां मदींच तुट्टां अशें ताका खीणभर दिसलें. आपल्याक चीं खातलें काय चूं खातलीं हाचेर विचार करीत तो तसोच चोंचींत पडून रावलो. आतां उपाय करप शक्यच नाशिल्लें. चीं ल्हान आशिल्लें खरें. पूण ताची चोंच बरीच

घट्ट आशिल्ली. ताणें ती आंवळून धरिल्ल्यान गुंडूचें आंग सामकें दुखतालें.

चीं न गुंडूक आतां सकयल आपटूंक सुरवात केली. आपूण सगलोच चूं च्या तोंडांत जावपाचो नां देखून चीं आपल्याचे कुडके करूंक सोदता हें ताका कळळें. आपल्या आंगाचे कुडके जांवचे पयलींच जीव वांचोवपाचो कितेंय तरी उपाय करप गरजेचें आशिल्लें. पूण तो बाबडो कितें करतलो आशिल्लो ? आनी एकदां तांच्या आंगाचे दोन कुडके जाले म्हणटकच ते जोडप शक्यच नाशिल्लें. कशेय भशेन आपणें चीं चे चोंचींतल्यान सुटूंक जाय अशें ताणें थारायलें.

चीं न गुंडूक परत एकदां सकयल आपटून आपली मान कचा कचा हालयली. गुंडू दुखीन कळवळळो. ताणें आवय म्हण बोब मारली आनी इतल्यान चूं आनी चीं न एकदम मोठ्यान रडपाक सुरवात केली. रडपाखातीर चींन आपली चोंच मातशी उकती केल्ली तोच वेळ गुंडून घेतलो. ताणें नेटान उसळी मारली आनी पुटूक करून तो चीं चे चोंचींतल्यान भायर सरलो. चीं आनी चूं अशीं आकांतान कित्याक रडटात तें लेगीत तो पळोवंक रांवलोंना. तांचो कोण तरी दुस्मान आयला हें तांच्या रडपावेल्यान गुंडूक कळळें. पूण चीं च्या दुस्मानाकडेन लक्ष दिवपाक ताका वेळ नाशिल्लो. ताका पयलीं आपल्याच दुस्मानाकडल्यान सुटका करून घेवपाची आशिल्ली.

सकयल पडटां पडटां गुंडून हांगा थंय नदर मारली. तो, चीं चो तो घोंटेर एका रूखार वयर आशिल्लो म्हणपाचें ताका दिसलें. त्या रूखावयल्यानूच तो आतां सकयल पडटालो. पडटां पडटां रूखाच्या पानांक आपटतालो. ह्या पानावेल्यान त्या पानार पडटालो. पूण ताका ताची दूख लागनाशिल्ली. तो मरणाच्या तोंडांतल्यान भायर आयिल्लो. तरी पूण आतां आपूण खंय पडटलों हाचो ताका हुसको आशिल्लोच. आपल्या वांट्याक आनीक कितें वाडून दवरलां हाची ताका कांयच खबर नाशिल्ली.

तो आपटत झडपत सकयल येत आशिल्लो. मदीं मदीं गुंडू रूखाच्या पानांक घट्ट धरपाचो यत्न करतालो. पूण ताका तें जमनाशिल्लें. तशी खटपट करतां करतां तो त्याच रूखाच्या खांद्याक आपटलो आनी थंयच उरलो. आंग सामकें दुखावल्लें. तरी लेगीत आपूण खंय आसां ? आसां ते सुवातेर बरो आसां काय आपल्याक आनीक कसलो भंय आसा हें तो पळोवंक लागलो. हांगा थंय नदर भोंवडायत तो पळयतालो. एके सुवातेर ताची नदर थिरावली आनी परतून एकदां

गुंडू भंयान कडकडलो. ताची दांतखिळी बसली.

तो रूखाचे जे खांदयेर पडिल्लो ताचे मुखारूच एक व्हडली जीब सकयल वयर जाताली. ताचेच सारको पोट ओडीत चलपी, तोय एक मातयेंत रावपीच ताचो दुस्मान आशिल्लो. आपले सारको दिसपी, आपले सारकोच चलपी हो आपलो मातयेभाव मात आपले परस खुबूच लांब आनी मोठो आसा तें पळोवन गुंडूक अजाप दिसतालें ! ताचें चलपूय खुपूच फांस आसतालें. आपल्या सारख्या ल्हानांचें चलपूय ल्हान हें पळोवन गुंडू खंती जालो.

गुंडूचो नवो दुस्मान रूखाक वेटोळें घालून राविल्लो आनी मुखार मुखार सरतालो. ताचो रंगूय रूखाच्या पानांवरीच पांचवो पांचवोच आशिल्लो. मोठ मोठ्या दोळ्यांनी गुंडूक पळयत तो आपली जीब भायर भितर काडटालो. चीं आनी चूं भियेंवन वेदोळ रडटालीं तीं हाकाच लागून म्हणपाचें गुंडून वळखलें. हाकाच लागून गुंडू चीं च्या तोंडांतल्यान सुटिल्लो. पूण आतां तो ताच्याच तोंडांत पडिल्लो ताचें कितें ?

रूखावेलो तो पासको गुंडूक पळोवन मुखार मुखार येतालो. गुंडू ताका भिवून फाटीं फाटीं सरतालो. खंयच्याय खिणाक आपल्याक तो पासको सगलोच गिळून उडयतलो म्हणपाचें कळून गुंडू जाता तितलें आपलें आंग फाटीं घेवंक लागलो.

तो ते खांदये वयल्यान फाटीं फाटीं सरूंक शकतालो. ताचें आंगूच अशें आशिल्लें की तो तें मुखारूय व्हंरूक शकतालो आनी फाटींय व्हरूंक शकतालो. पूण दोळे मुखार आशिल्ल्यान आपूण फाटी खंय सरतां हें ताका कळनाशिल्लें. झाडाची खांदी अशीर आशिल्ल्यान आपूण फाटीं खंय सरतां हें ताका कळनाशिल्लें. झाडाची खांदी अशीर आशिल्ल्यान फाटी सरता आसतना तो चुकून सकयल पडूंक शकतालो. हरशीं तो पडून पडून सकयल पडपाचोच. पूण आपूण जंय जंय पडटां थंय थंय कसल्यातरी लचांडांत सांपडटां म्हणपाचें ताका कळिल्लें. आतां तो ज्या रूखाचे खांदयेर आशिल्लो ताचे सकयल ताका कितें तरी गरम लागतालें. लागींच खंयतरी आपलें आंग भाजपी ती उजो नांवाची वस्त आसा हाचो ताका अदमास लागलो. असलो उजो लागीं पासून आसल्यार ताच्या धगान आपल्या सारक्यांचो जीव वता अशें ताचे आवयन सांगिल्लें ताची ताका याद जाली. एक दीस जमनींतल्यान वयर येवन तिणें ताका उजो म्हळ्यार कितें, ताचे पासून पयस कित्याक रावंक जाय हें सांगिल्लें.



उज्याचो वयर येवपी धुंवर आनी ताची ती गरमी पळोवन गुंडू सामको भिल्लो. आनी भिवंचोना कित्याक ? जमनींत मात लेगीत थंडसाण नासत जाल्यार ताचो जीव सामको खासावीस जातालो. पावस पडून जालो म्हणटकच वोत पडटालें. ताची थंड थंड माती गरम जावंक लागताली. ताचें मोव मोव आंग मागीर गरमेन चरचरतालें. तशी ताची आवय ताका मातयेंत खूब पोंदा व्हरताली. थंडसाण आसा थंय व्हरून दवरताली. आंगाक थंड लागलें म्हणटकच ताच्या जिवाक बरें ऽऽ दिसतालें.

पूण हो उजो म्हणटात तो वोता परस चड गरम गरम आसतालो. व्हडलीं झाडां लेगीत लासून गोबोर जाता हें ताणें पळयल्लें. अशा वेळार त्या उज्यांत पडप सोडाच ताचो मातसो धग लागल्यार देखून आपूण करपून काबार जातलों हाचें भान ताका आशिल्लें. घोंटेरांतल्यान सकयल पडटा आसतना असल्याच उज्याचो वास, ताचो धुंवर हय न्हय सो लागिल्ल्यान लागींच खंय तरी उजो आसा असो अदमास ताणें काडिल्लो. तेच खातीर आपूण खांदये वयल्यान चुकून सकयल पडचो न्हय हाची काळजी तो घेतालो.

गुंडूक चीं च्या तोंडांतल्यान वांचोवपी तो पासको हळूहळू मुखार येतालो. ताका मरणाच्या तोंडांतल्यान भायर काडपीच आतां ताचें मरण जावन मुखार मुखार येतालो. आतां खादंये वयल्यान सकयल पडून उज्यांत मरप वा पासक्याच्या तोंडांत पडून ताचें भक्ष्य जावप हे दोनूच पर्याय गुंडू मुखार आशिल्ले. मातयेंतल्यान भायर सरत सावन व्हडल्या व्हडल्या मरणांतल्यान, संकश्टांतल्यान तो अजापीत पणान वांचून उरिल्लो. ताचें नशीब बरें आशिल्लें देखून तो मरणाच्या दारांतल्यान मातशी दूख लागून सुटिल्लो. पूण आतां मरण ताचे मुखार दार उकतें करून राविल्लें.

आपलें रबरासारकें आंग फाटी ओडीत ओडीत गुंडू आपल्या आंगा इतलोच पयस पावलो. तरीय नेटान तो फाटीं सरपाचो यत्न करतालो. तो पळपाक सोदता म्हणपाचें आतां पासक्याक कळळें आसुये ! पयलीं हळू हळू मुखार सरतालो तें सोडून ताणेंय नेट धरलो. खांदयेचेर सरकटत, पोट ओडीत तो मुखार मुखार सरूंक लागलो. ताची सुलूस आतां रूखावयल्या चानयांकूय लागिल्ली. त्यो हांगा थंय धावून, आपल्या शेपड्यांचो तुरो फुलोवन वयर काडून चींग चींग, चीक, चीक, चीक चींग करीत रडपाक लागल्यो. तांचो आवाज आयकून सकयल आशिल्ल्या कों नूय मोठमोट्यान कोंक कोंक करून आरड मारूंक सुरवात केली. चीं आपल्या घोंटेरा भोंवतणीं भोंवाडो मारीत, पाखां फडफडायत चीं चीं चीं करितूच आशिल्ली. जण एकलो दुस्मानाची सुलूस लागून आपले परीन एकमेकांक शादूर करतात म्हणपाचें गुंडूक भावलें. पूण जाचेर हें येदें व्हडलें अरिश्ट आयिल्लें, जो सामको मरणाच्या तोंडांत आशिल्लो तो गुंडू मात रडपाखातीर, आकांत करपाखातीर आपलें तोंड उकतें करूंक शकनाशिल्लो.

रडून तरी कितें जावपाचें आशिल्लें आतां ! रडलोय जाल्यार पासको ताका मटक करपाचो आनी रडना जाल्यारूय गिळून उडोवपाचो. भंयान आंग गळसणावन विकळाप करीत बसचे परस धैर्यान, आयिल्ल्या संकश्टाक तोंड दिवप, संकश्टाक पयस करपाखातीर प्राण आसासर यत्न करप हेच तांचे नदरेन शाणेपणाचें आशिल्लें. दुबळो जावन जीव होगडावचे परस भंया विरयत मरणाकडेन झुजपाचो निर्णय ताणें घेतलो. आपूण गांयडोळ म्हणपाचें तो विसरलो. आपूण ल्हान आसलों तरीय आपले भितर जीव आसा. जाका जीव आसा तो हेरांचे नदरेन ल्हान, क्षुल्लक आसलो तरीय आपले पुरतो मोटो आसता

अशें शें कितें तरी ताका दिसलें. फाटीं फाटीं पळचे परस, पासको मुखार येतनाच ताका आपले तांकी प्रमाण खेळोवपाचो ताणें निर्णय घेतलो.

गुंडून फाटीं सरपाचें सोडलें. पासको आतां सामको ताच्या म्हऱ्यांत आयिल्लो. ताची वळवळपी जीब ताका दोळयांमुखार दिसताली. ती इतल्या वेगान भितर - भायर जाताली, भिरी - भिरी घुंवताली की तिचो वारो गुंडूक लागतालो. त्या वाऱ्यान ताच्या आंगार शिरशिरी वाडली. पूण आतां ताचो भंय गेल्लो. ताणें मनाची तयारी केल्लीच.

पासक्याची जीब ताचेवटेन मुखार आयली. गुंडून आपल्या आंगाचे स्नायू तायट करून ताणून धरले. आपलें पुराय आंग रबरा सारकें केलें. पासक्याची जीब आतां ताका तेंकतली आनी तिका दसून तो ताच्या तोंडांत अचळय वतलो अशें दिसता थंयच आसा, गुंडून पुटूक करून पलटी मारली. पासक्याक कितें घडलें तें कळ्ळेंच ना. जिबेक दसून गुंडू आपल्या तोंडांत येवचे बदला ताची वळवळपी जीब वचून रूखाचे खांदयेक आपटली. खादयेचे कांटे ताचे जिबेक लागले, जिबे वांगडा माती दसून आयली. पूण जीब लींप करीत बसपाक

पासक्याकडेन वेळ नाशिल्लो. खंयचेय परिस्थितींत गुंडूक गिळप हेंच ताका म्हत्वाचें आशिल्लें. जीब नेटान हालयत ताणें रागान आपलें बोडीक घुंवडायलें. ताचे वाटकुळे दोळे गुंडूक सोदूक लागले.

गुंडून पलटी मारून ताका चुकयलो. स्वताक सावरून पासको ताचे वटेन घुंवपाची तो वाट पळयतालो. ताचें तें गुंडू परस कितले तरी पटीन लांब आशिल्लें आंग रूखाचे ते खांदयेक घुसपावन वळयता म्हणसर बरोच वेळ लागिल्लो. तितले म्हणसर गुंडून बरोच व्हडलो स्वास घेतलो. सुसेग घेवन परतून आपले स्नायू घट केले आनी पासक्याची जीब आपले वटेन येवपाची वाट पळयत तो रावलो.

पयलीं परस नेटान जीब हालयत, घुंवडांयत पासको गुंडूक सोदतालो. लागीं पावतकच ताणें जीब लांब करून गुंडूक तेंकयली. गुंडू तयार आशिल्लोच. जीब आंगाक तेंकचे पयलींच ताणें परतून पलटी मारली. आनीक एकदां पासक्याचो तीर चुकलो. पयलीं सारकीच जीब वचून खडबडीत खांदयेक नेटान आपटली. पासको सामको निण्णळ्ळो. ताची जीब चुरचुरली. दुखली. माती आनी लाकडाचो पिठो तोंडांत गेलो.

पासक्याचें बाबतींत असलें पयलीं केन्नाच घडूंक नाशिल्लें. ताणें झाडावयल्या कितल्यातरी किड्यांक एकाच धपक्यान ह्या पयलीं मटक केल्लें. केन्ना आपूण पासक्याचे जिबेक सांपडलों आनी ताच्या पोटांत पावलों हें अजून मेरेन ताच्या पोटांत गेल्ल्या एकाय किड्याक समजूंक नाशिल्लें. पूण हो मातयेंतलो गांयडोळ रूखा खांदयेर येवन भलतोच शाणो जाल्लो. केन्ना कोणें भोगोवंक नाशिल्ले त्रास आनी वेदना त्या मातयेंतल्या गुंडून ताका भोगयल्ले.

रागान आनी लिडकीन तो सदचे परस चडूच पांचवो जालो. ह्या गांयडोळाक खावन उडयल्या बगर तो सुदारचोना आनी आपल्याक समादान गांवचेना असो विचार करून पासको अदीक नेटान गुंडू वटेन परतलो. गुंडू तयार आशिल्लोच. ताणें परतून पलटी मारून पासक्याक फटयलो. ताची जीब आनी बोडीक दुखयलें. ताचे वळवळे पळोवन हांसत सुटलो गुंडू. बरोच वेळ पासक्याक हांगा थंय नाचोवन नाचोवन गुंडूय आतां थकलेलो. पूण ताच्याय परस चड पासको कांसार जाल्लो. गुंडू ते एकेच सुवातेर हांगा - थंय लंवडतालो. पूण ताका धरपाखातीर पासक्याक आपल्या बोडकासयत पुराय आंग हालोवंचें पडटालें

आनी सकयल पडचो न्हय म्हूण खांदयेक घट्ट वेटाळो मारूनय रावचें पडटालें.

चार - पांच फावटी ह्या मातयेंतल्या गांयडोळान फटयलो देखून, माती सोडून झाडाचे तेंगशेर रावंक आयिल्लो तो पासको रागान अदीकच पांचवो पांचवोच जालो. येद्या व्हडल्याक एका ल्हानशा गांयडोळान बुद्द शिकोवप म्हळ्यार ताचो अपमान आशिल्लो. गुंडूक आनीक चान्स ना दिवपाचें थारावन तो सारको मांडून रावलो. तो खंयचे वटेन आतां लंवडतलो हाचो हिशेब मांडलो आनी आपलें बोडीक वयर करून दुखिल्ली जीब चडूच भायर काडून, एकाद्र नेटान गुंडूचेर झोपय मारली.

गुंडू सामको थकलेलो. तरीय तो ताच्या जिवन - मरणाचो प्रस्न आशिल्लो. जिवाच्या आकांतान ताणें पलटी मारली आनी गुंडूचो तोल गेलो. खांदयेवेलो ताचो आदार सुटून झरकटत तो सकयल सकयल चलूंक लागलो. सकयल सकयलं येत रावलो. सकयल पडटा आसतनाच पासक्याची जीब दुखून तो बरोच वळवळटा आसतलो असो विचार तकलेंत येवन, तेय परिस्थितींत गुंडूक हांसूंक येवंक लागलें.

खांदये वयल्यान पडून गुंडू सकयल येतालो. घट केल्ले आपले स्नायू ताणें सदळ केल्ले. मातसो सकयल येतनाच ताका उज्या धुंवराचो परतून वास आयलो. थोड्या वेळान आंगाक धगूय लागूंक लागलो. खंयतरी उजो आसा म्हणपाचें ताणें वळखलें. नक्की आपूण आतां उज्यांत पडून मरतां अशी ताची खात्री जाली. मदीं झाड आशिल्लें आनी ताचेर आपूण पडत जाल्यार वांचतलों अशी थोडी आस ताच्या मनांत आशिल्ली. आनी तेंय झाड जर उज्याचें आसल्यार मागीर.

पासक्याच्या तोंडांतल्यान येदी व्हडली लडाय मारून प्राण वांचोवपांत कसलोच हाशील नाशिल्लो.

सकयल येता आसतना गुंडून खंयीच उजो दिसता काय पळोवपाचो यत्न केलो. तो जंय सकयल सकयल येतालो थंयच पोंदा कोणेंतरी उजो पेटयल्लो. त्याच उज्याची ऊब ताका लागताली. आपलें आतां सोंपलें, एकदां त्या उज्यांत पडलों कीं मागीर कांयच करप शक्य ना. एकाच खिणांत आपलो गोबोर !

गुंडून आतां हालचाल करप सोडलें. प्राण वांचोवपाचो यत्न करपांत कांयच अर्थ नाशिल्लो. मदीं कित्याक धरून रावतलों म्हळ्यारूय तें शक्य नाशिल्लें. तो वाऱ्यार आशिल्लो. वयल्यान सकयल येतालो. वाऱ्यावेली सगळी धडपड व्यर्थ म्हणपाचें ताका कळ्ळें. ताणें आपले आवयची निमणी अशी याद केली. हय ! निमणीच याद ती. एकदां उज्यांत पडलो म्हणटकच कोणाचीच याद करपा भायर तो पावपाचो. आपुणय उज्याचोच एक घटक जावन वचपाचो.

उज्याचो धग हळूहळू वाडटालो. हाचोच अर्थ तो उज्याच्या चड चड लागी पावतालो. इतल्यांत कितें अजाप घडलें कोण जाणा ! सकयल येवपी गुंडू वयले वयर थारलो. कित्याचेर तरी तो पडिल्लो. मदीं एकूय झाड नाशिल्लें कसली वेल नाशिल्ली. मागीर आपूण पडलों कोणाचेर ? कोणाच्या आदारान आपूण मदलेमदीं उरलो ? आपूण जाचेर पडलां ताचे तांबडे, पांचवे, हळदुवे रंग ताच्या दोळयांक दिसूंक लागले. हें कितें काय ? झाडाचें फूल काय झाडाचें वाऱ्यार उबपी सुकलेलें पान ? कितेंय जांव ! ते वस्तून गुंडूक अचळय वयले वयर जिखून घेतिल्लो. ताका घेवन वाऱ्याचेर उफेतत उफेतत ती वस्त मुखार मुखार वताली. उज्याचो धग आतां गुंडूक मात लेगीत जाणवनाशिल्लो. स्वस्थ पडून रावून गुंडून आपूण कित्याचेर आसां, आपलो प्राण कोणे वाटायलो हें पळोवंक सुरवात केली.

ताचेच सारको तोय एक जीव आशिल्लो, पूण तो ताचे सारको मातयेंत रावपी नाशिल्लो. तो फुलांचेर रावपी फूल कसोच दिसतालो. फुलां सारखींच ताका पाखां आशिल्लीं. तीं हालयत तो वयर वयर उडटालो. आपल्याकूय अशींच पाखां आशिल्लीं जाल्यार काय बरें जावपाचें ! आपुणूय हाचे सारको उडत वाऱ्यार भोंवपाचों. पूण आपल्या नशिबांत मातयेतूच रावपाचें आसा !

ह्या विचारांनी गुंडू खंती जालो. पूण आपल्याक पाखां नांत ती नांत ह्या पाखां आशिल्ल्या आपल्या भावान आपल्याक वांचयलो म्हूण तो खूश जालो. मनांतल्या मनांत ताका दिनवासूं लागलो.

फुलांच्या रंगाचो तो जीव, तें फुलपाकुलें फुलाफुलार भोंवतालें. एका फुलावयल्यान म्होंव चोखून तें दुसऱ्या फुलाचेर वचूंक उडटना मदींच ताका जमनीर उजो दिसलो. ताचो धग लागल्यार आपलीं नाजूक पाखां जळटलीं म्हूण तें भिलें. एकाच नेटान ताणें वयर वचूंक सुरवात केली. इतल्यांत वयल्यान ताचेर ज्युस्त मदीं कितें तरी पडिल्लें. तें फाफडून उडोवंक ताका वेळ नाशिल्लो. मातशें जड लागतालें. तरीय ताच्यान उडपाक येतालें. खंयच्याच पानां - फुलार बसून

मागीर फाटीर कितें आसा तें फाफडून उडोवं येता अशें चिंतून तें बाबडें उज्या पासून पयस वतालें. ताका खंय खबर आशिल्लें, आपले फाटीर गुंडू पडला आनी ताचो जीव आपणें वाटायला, साल्वार केला हें !

फूल सोंदूंक उडपी फुलपाकुल्याचे फाटीर गुंडू अचळय न्हिदून आशिल्लो. ताका तशें पडून रावपांत मजा दिसताली. आपूण असो उबून वतां तें पळोवन ताका मजाच दिसली. मात लेगीत हालनासतना तो पडून रावलो. आतां ताच्या मनांतलो मरणाचो भय गेल्लो. तो शांतपणान सकयल वयर उडपी फुलपाकुल्याक घट्ट धरून रावलो. आपूण आतां पासक्याच्या तोंडांतल्यान आनी उज्याच्या धगांतल्यान सुटलां म्हणपाचें ताका कळून आयल्लें. फुलपाकुलें ताका सकयल वयर करीत उडटालें. जशें तें वयर वतालें तशें गुंडूचें काळीज जड जड जातालें आनी अकस्मात फुलपाकुलें सकयल आयलें म्हणटकच ताच्या काळजांत खप्प जातालें. ताचें काळीज ल्हव ल्हव जातालें. मदीं मदीं गुंडू फुलपाकुल्याचे फाटीवयल्यान लवंडतालोय बी. पूण दोनूयवटांच्या रंगरंगयाळ्यां पाखांक लागून तो आडखळून उरतालो. सकयल पडपाक ताका संदूच नाशिल्ली.



गुंडूच्या मनांतलो भंय आतां पुरायेन गेल्लो. आशिल्ली ती जिवितांतली खुशालकाय. आपलेच सारको पूण पाखां आशिल्लो हो आपलो भाव आपल्याक त्रास दिवचोनां, खावचोनां वा मारचोनां हें ताका ताच्या पाखांचे उबेनूच होलमल्लें. ते भायर चीं जशें ताका मातयेपासून खूप वयर घेवन गेल्लें तशें हें फुलपाकुलें आपल्याक व्हरचेंना म्हणपाचें अणभवान ताका कळ्ळें. फुलपाकुल्याचे फाटी वयल्यान गुंडूक आपली माती दिश्टी पडटाली तिचो वास लागशिल्ल्यान ताका घेवंक येतालो. आपल्याक जाय तेन्ना तो ते फाटीवयल्यान, जाय तसले मोव मोव थंड थंड मातयेंत उडी घेवंक शकतालो. पूण नशिबान असली फुलपाकुल्याचे फाटी वयल्यान करूंक मेळिल्ली भोंवडी ताका परतून मेळपाची नाशिल्ली. शक्य जाता तितलें हें सूख घेवपाचें. जिवितांतली खुशालकाय ती. ताच्या हेर बांधवांक केन्नाच भोगूंक पावलीना ती ताका पुरायेन उपभोगपाची आशिल्ली.

फुलपाकुलें केन्ना सकयल वतालें तर केन्ना वयर. मदींच तें आपलीं पाखां हालयतालें जाल्यार केन्ना केन्ना तीं हालयनासतनां वाऱ्यार उफेतालें. गुंडूक ती वाऱ्यावयली भोंवडी भोवच मानवली. नांय म्हळयार ताणें ही असली भोंवडी हे पयलीं चीं च्या तोंडांतल्यान केल्ली. पूण तातूंत सूख नाशिल्लें. आपल्या जिविताची खात्री ताका नाशिल्ली. जेन्ना मनांत भंय आसता तेन्ना कोणाकूच कसलेंच सूख अणभवूंक मेळना. जिवितांतलीं सुखां भोगतलो, तांची रूच चाखतलो जाल्यार मन कशें भंया विरयत आसूंक जाय हें ताका आतां उमगल्लें. मनांत भंय दवरून रावल्यार जिवितांतली खंयचीच गजाल खरे तरेन तोखेवंक मेळना म्हणपाचें ताका ह्या अणभवांतल्यान कळून आयलें.

गुंडू आपल्या माणकुल्या दोळ्यांनी फुलपाकुल्याच्या पाखांचे रंग नियाळटालो. ताणें आयजवयर फक्त मातयेचो आनी तणाचो रंग तितलो पळयल्लो. मातयेक तेंकून आशिल्ल्या फुलांचोय रंग ताका केन्ना तरी एकदां असोच पळोवंक मेळिल्लो. चीं ताका रुखार घेवन गेल्लें तेन्ना थोडोवेळ पानांचोय रंग ताका पळोवंक गावल्लो. पूण हांगा इतले लागिंच्यान ताका तरांतरांचे, केन्नाच पळोवंक नाशिल्ले रंग दिसताले. इतलेंच न्हय तर तो खासा त्या रंगाचेरूच पडून आशिल्लो. त्या रंग रंगयाळ्या पाखांक दोळेय आशिल्ले आनी ते गुंडूक पळयताले. गुंडूक त्या दोळ्यांचो भंय दिसलो. ते दोळे चीं, चूं, कों, पीं

हांच्या दोळ्यांसारखे हालनाशिल्ले. गुंडून त्या पाखांवयल्या दोळ्यांक पळोवपाचें सोडून फुलपाकुल्यावरीं हांगा थंय पळोवंक सुरवात केली. ताचें आनी फुल पाकुल्याचें आंग वेगवेगळें आसून लेगीत तोच फुलपाकुलेंजावन गेल्लो. ताका आपल्याकूच पाखां फुटिल्ल्या सारकें भावपाक लागलें !

फुलपाकुलें ह्या फुलावयल्यान त्या फुलार वचून बसतालें. फुलाच्या कानाक तोंड लावन कितें तरी सांगतालें. फूल ताका आपलें म्होंव भेटयतालें. तें चाखून फुलपाकुलें दुसऱ्या फुलार वतालें. तो सगळो प्रकार पळोवन गुंडूक मजाच दिसली. ताणें आतांमरेन कितलीं तरी फुलां सामकीं लागिंच्यान पळयल्लीं. धवीं फुलां, निळीं फुलां, हळदुवीं फुलां, गुलाबी, तांबडीं तरांतरांची फुलां. कांय बारीक कांय मोटी. फुलपाकुल्या सारकें आपणेंय त्या फुलांत पडून रावचें अशें गुंडूक खुबदां दिसलें. आपणेंय फुलांतलें म्होंव चाखचें अशी इत्सा ताका जाली. पूण आपलें मातयेचें मातयेंतलें आंग त्या फुलांक लावपाचें धाडस ताका जालेंना.

फुला फुलार भोवून फुलपाकुलें आतां कंटाळ्ळें आसुंये. ताच्या उडपांत आतां उबगण आयल्या अशें गुंडूक भावलें. आपल्या वज्यान बाबडें थकलां आसतलें

अशेंय ताका दिसलें. आपल्या सुखाखातीर दुसऱ्यांक चड त्रास दिवप ना अशें ताच्या मनांत आयलें. आपली स्वताची तांक नासतनां दुसऱ्यांचे तांकीचेर, दुसऱ्यांच्या आदाराचेर वाऱ्यावयलीं सुखां भोगपाक, गांयडोळ जावनूय ताका पुटवलेंना. बरें दिसलेंना. आतां संद मेळटा तेन्ना आपले मातयेंत उडी घेवन आवय म्हऱ्यांत वचचें अशें ताणें चिंतलें. थंयच ताचें खरेलें जिवीत आशिल्लें. तीच ताची कर्मभूंय आशिल्ली.

एका हळदुव्या फुलावयल्यान बऱ्याच वेळान फुलपाकुलें उडलें. मदीं ताणें गुंडूक फाफडून उडोवपाचोय यत्न केलो. पूण गुंडू ताका घट्ट धरून आशिल्ल्यान पडलोंना. फुलपाकुलें तशेंच वयर उडलें. वाऱ्याची थंड हवा गुंडूक लागली. ताचो जीव सुखावलो. फुलपाकुल्याक आतां सोडचें अशें ताणें चिंतून तो संदीची वाट पळोवंक लागलो. फुलपाकुलें मातयेकडेन मातशें लागीं आयलां अशें दिसताच ताचे फाटी वयल्यान सकयल घसरपाचो ताणें निर्णय घेतलो. आतां तो सकयल लंवडतलो, इतल्यांत झपूप करून ताचे फाटीर कितें तरी नेटान आपटलें. फुल पाकुल्यासयत गुंडू जमनीर मातयेंत पडलो. कितें घडलें तें ताका कळूंकच ना. वळवळत ताणें फुलपाकुल्याकडे पळोवपाचो यत्न केलो. फुलपाकुलें ताच्या म्हऱ्यातूच पडिल्लें. आपलीं पाखां हालयत तें फडफडटालें. मोटया कश्टान उडपाचो यत्न करतालें. इतल्यांत परतून ताचेर झप्प झप्प करून कितें तरी पडलें. उडपाचो यत्न करपी फुलपाकुलें निश्प्राण जावन पडलें. आतांच उडपी तें केन्नाच उडूंक नाशिल्ल्या भाशेन मातयेंत पडलें. फुलाचेर बसपी, फुलांत न्हिदपी तें पाकुलें अशें मातयेंत पडिल्लें गुंडूच्यान पळोव नज जालें. पूण हें सगळें अशें कशें घडलें ?

फुलपाकुल्यांक, आपलो जीव वांचयल्ल्या त्या आपल्या इश्टाक आदार दिवपाखातीर गुंडू मुखार सरूंक लागलो. कांय ना जाल्यार ताची जखम तरी आपल्या तोंडान सांसपुची अशें ताका दिसलें. तो मातसो मुखार सरलो आनी थांबलो. एक व्हडलो हात सकयल येतना ताचे नदरेक पडलो. आपले भाव जांच्या पायांपोंदा पडटात आनी चिडूडतात त्या मनशाचो तो हात म्हणपाचें गुंडून वळखलें. त्याच हातांनी फुलपाकुल्याक आनी गुंडूक सकयल मातयेर उडयल्लो.

हाताचीं बोटां फुलपाकुल्याक लागलीं. बोटांचे चिमटेन फुलपाकुलें वयर उखल्लें. ज्या पाखांनी तें उडटालें त्याच पाखांक धरून मनीस ताका जमनी पासून

वयर घेवन गेलो.



'बरो रंगीत न्हय हो पाखो ?'

'हय तर ! बरोच व्हडलो आसा. हांव ताका पुस्तकांत घालून दवरतलों.'

'ना. हांव तो फाल्यां सराक दाखोवंक शाळेंत व्हरतलों. हांवे ताचेर पयलीं सारन मारल्या. तो म्हाका जाय.'

मनशांच्या भुरग्यांचो हो बोवाळ म्हणपाचें गुंडूक रोखडेंच कळळें.

आपलो प्राण वाचोवपी तो आपलो इश्ट, तें फुलपाकुलें खंय दिसता काय पळोवपाचो गुंडून यत्न केलो. पूण ताच्या दोळ्यांक तो खंयच दिसलोंना. दिसताले ते लागींच, सामकें लागीं आशिल्ले मनशाल्या भुरग्यांचे पांय. ज्याच्या पोंदा आमी चिड्डतात म्हणपाचें ताची आवय ताका सदांच सांगून, त्या पासून जाता तितलें पयस रावपाची शिटकावणी ती दिताली.

गुंडून हळूहळू आंग हालयत त्या पांयांपासून पयस वचूंक सुरवात केली. एककडेन मोव माती लागतांच मातयेभितर तो मुंगरपाक लागलो.

'हे, हो पळय हांगा एक गांयडोळ आसा. तूं सोदतालो न्हय रे गरयेक

लावपाखातीर !'

'हय, म्हाका गरोवंक वचपाचें आसा. हांव त्याच खातीर गरी घेवन भायर सरिल्लों. पूण तूं फुलपाकुल्याक मारता तें पळोवन हांवूय तुजे वांगडा आयलों. खंय रे तो गांयडोळ ? राव हांव धरता ताका.'

मनशाचीं तीं भुरगीं बोवाळ घालतात तें गुंडूक आयकूंक येतालें. तो बेगबेगीन मातयेंत वचपाचो यत्न करूंक लागलो. तो आपलें तोंड मातयेंत मुंगरता थंयच आसा, मनशाच्या त्या भुरग्चांनी ताका चिमटेंत धरून वयर उखल्लो. सुटपाखातीर गुंडू धडपडपाक लागलो, वळवळपाक लागलो.

आपल्या मरणाचे उतळताप अजून सोंपूक नांत म्हणपाची जाणविकाय गुंडूक जाली. आपलो प्राण आतां वांचलो अशें ताका दिशिल्लें तें फट आशिल्लें. ताचो प्राण वांचोवपी ताचो इश्ट ताच्या दोळ्यांमुखार प्राण होगडावन बशिल्लो. ताच्या मरणाक आपूण जापसालदार आसां अशें गुंडूक

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001044

ताका रडूंक येवंक लागलें.

'या मरे आमी गरोवंक ?'

'हय. हांव गरी घेवन येतां रोकडो.'

फुलपाकुल्याक धरिल्लो तो भुरगो थंयच्यान धावलो.

गुंडू दुसऱ्याच्या हातांतल्यान सुटपाचो यत्न करूंक लागलो. हो आपल्याक आतां कितें करतलो हें ताका कळना जालें. ताच्या बोटांतल्यान ते चिमटेंतल्यान सुटपाचो उपाय सोदून ताका गावना जालो.

'ही पळय हांवें गरी हाडल्या. चल या आमी आतां गरोवपाक.'

फुलपाकुल्याक घेवन गेल्लो मनशाचो भुरगो हातांत एक गरी घेवन आयलो. ताणें गुंडूक आपल्या हातांत घेतलो. हांचो आपल्याक मारपाचो हेत आसा हें गुंडूक तांच्या स्पर्शविल्यान उमगलें. आपलें मरण मनशाच्याच हातांत आसा म्हणपाची खात्री ताका जाली.

गुंडूक घेवन तीं भुरगीं न्हंयचे देगेर गेलीं. आपूण उदकाकडेन पावलां म्हणपाचें ताका उदकाच्या वासान आनी थंडसाणेक लागून होलमलें. तो जाचे चिमटेंत आशिल्लो ताणें गुंडूचें आतां तोंड घट्ट दामून धरिल्लें. दुसऱ्यान गुंडूच्या तोंडांत कितेंतरी घटघट चिडूडीलें. ती वस्त गुंडूचें मांस चिरीत बद्द पोटामेरेन गेली.

'गरो सामको लिपय त्या गांयडोळाच्या मासांत'

गुंडूक धरून आशिल्लो भुरगो उब्लयतालो आनी दुसरो ताचे सांगणे प्रमाण गरो गुंडूच्या पोटांत मुखार मुखार धुकलतालो. दुखीन गुंडू सामको वळवळटालो. पूण आतां सुटपाचो ताचेकडेन कसलोच उपाय उरूंक नाशिल्लो.

गुंडू आतां वाऱ्यार हुमकळटालो. ताच्या पोटांत घट घट कितें तरी गेल्लें. ती वस्त ताका सामकी त्रास दिताली. वाऱ्यार हुमकळत गुंडू सकयल सकयल गेलो. उदकांत बुडलो. थंड किरांव उदकांत वतनाच ताच्या जिवाक मातशें बरें ऽऽऽ दिसलें.

उदकांत गेल्या बराबर गुंडून हांगा थंय पळयलें. उदकांत खूब नुस्तीं हांगा थंय पेंवताली. ताका उदकांत आयला हें पळोवन सगळीं धांवत ताच्या म्हऱ्यांत आयलीं. ल्हान तशीं व्हड कितलीं तरी नुस्तीं. आपूण येदी व्हडली भोंवडी मारून आयलां, कितले फावट तरी मरणांतल्यान वांचलां देखून तीं आपल्याक पळोवंक आयल्यांत अशें गुंडूक दिसलें. पूण तो ताचो भ्रम आशिल्लो. सगलीं एकदम ताच्या म्हऱ्यांत आयलीं ती तोंडां उकतीं करून ताका गिळपाकूच. बारीक बारीक

नुस्त्यांनी ताची शेंपडी चांचावंक सुरवात केली. मोटें नुस्तें येतकच धाकटीं पयस धांवतालीं आनी लिपून आडसाक रावून ताका घासडायतालीं. ताणीं ताका तोंड लायल्या बराबर तो नेटान आपशींच वयर वतालो. कोणेतरी ओडून व्हेल्ले भशेन उदकाच्या भायर सरतालो. नुस्त्याच्या तोंडाकडेन पावतांच आतां आपल्याक हीं गिळटलीं अशें दिसता थंयच आसा, तो तांच्या तोंडांतल्यान सुट्टालो. मनशाची भुरगीं ताका तांच्या तोंडांतल्यान वांचयतात म्हणपाचें ताका कळ्ळें. आपल्या जिवाकडेन तांणी असो खेळ मांडला तो पळोवन ताका खूप वायट दिसलें.

गुंडू परतून उदकांत गेलो. खूब सकयल. ताणें हांगा थंय पळयलें. ताच्या म्हऱ्यांतूच एक व्हडलें नुस्तें तोंड उक्तें करून आशिल्लें. सामकें लागीं धांवत येत ताणें गुंडूक आख्खोच तोंडांत घेतलो. गुंडू सुर्र करून ताचे भितर गेलो. गुंडून चितलें आपलो अंत नुस्त्याच्याच पोटांत थारायल्लो आशिल्लो. ताणें भियेवन आपले दोळे धांपले. आनी इतल्यांत ताच्या आंगाक हिसको बसलो. एकाच नेटान तो उदका पासून वयर सरलो. पूण आतां तो एकटो नाशिल्लो. ताका तें नुस्तें लांबतालें. ताचे सयत तो इतल्या नेटान वयर आयलो की कितें घडलें तेंच ताका कळ्ळेंना.



नुस्त्यान घांस मारिल्लो ताचे शेंपडेचो कुडको तुटून नुस्त्याच्या तोंडांत उरिल्लो. गरयेक तोपिल्लें ताचें तोंड त्या नेटावरी सुटिल्लें आनी तो वयर वयर शेंवटल्लो. वयर वचून रूखाच्या पानाक आपटल्लो. तसोच तो सकयल येवंक लागिल्लो.

आपल्या आंगाचो फाटलो कुडको तुटला म्हणपाचें गुंडूक कळ्ळें. तोच भाग ताका दुखतालो. पूण ताची चिंता करीत बसपाचो हो वेळ नाशिल्लो. कुडको गेला तो परत येवं येतालो. जर प्राणूच गेल्लो जाल्यार ?

गुंडू पानाक आपटत आपटत सकयल येतालो. आपूण खंयचे सुवातेर पडटां हें पळोवपाचो यत्न करतालो. जमनीकडेन पावतांच ताणें दोळे मोठे करून पळयलें. थंयचें तें तण आनी ल्हान ल्हान फुलां - रोपां पळोवन आपूण घराकडेन पावलां हें ताका कळ्ळें. ताका आतां मात लेगीत जमनीर वेळ काडपाचो नाशिल्लो. जमनीवयर आसात तितलेय आपले दुस्मान हें ताका समजलें. जमनीर पडले बराबर मातयेंत मुंगरपाचो ताणें निर्णय घेतलो.

गुंडू नेटान सकयल येतालो. ताणें सकयल पळयलें आनी ताचो आवरो उडलो. तो सरळ जंय येतालो आनी जंय पडपाचो तेंच मर्णाचें दार आशिल्लें. पयलीं ताका तें पाचवें तण आनी त्या तणांत तांबडें फूल आसा अशें दिशिल्लें

पूण तें तण नासून पांचवो - हळदुवो बेबो आनी तांबडें दिसतालें तें फूल नासून बेब्याची जीब म्हणपाचें ताका कळ्ळें. बेबो तोंड उक्तें करून, मान वयर करून ताकाच सकयल येवपाची वाट पळयत राविल्लो. गुंडू केन्ना आपल्या तोंडांत पडटा आनी आपूण ताका गिळटां अशें तरेन तो राविल्लो.

गुंडू सकयल आयलो. अचूक बेब्याच्या तोंडांत पडलो. बेब्याचे जिबेर आपटलो. बेब्यान मटक करून तोंड धांपलें. पूण अजाप घडलें... ताणें तोंड धांपचे पयलींच तयारेंत आशिल्ल्या गुंडून आपले स्नायू तयार केले. जिबेक स्पर्श जाल्या बराबर पुटूक करून सगळी शक्त वापरून भायर उडी मारली. तो उसळलो आनी बेब्यान तोंड बंद करचे पयलींच जमनीर पावलो. तो खंय गेलो हें बेब्याक कळ्ळेंच ना. गुंडू आपल्या तोंडांतूच आसा अशें ताका दिसलें.

जिबेवयल्यान उडी मारून जमनीर आयल्या बराबर गुंडू तणाच्या पोंदा गेलो. वेळ लायनासतना मातयेंत मुंगरलो. कोणें तरी ताका घट्ट धरून मातयेंत ओडलो. पूण गुंडू भियेलोनां. ताणें आपले आवयचो मायेचो स्पर्श वळखलो. गुंडू आपलें दुखव विसरलो, आपली तुटिल्ली शेपडी विसरलो आनी आवयचे वेंगेंत घुसपलो.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
736

★ ★ ★

Returne
on

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: मस्त्या गुंडुची
नस्ती भौंवडी
Mostya Gundduchi
Nosti Bhounddi

YEAR: 1996

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN



# दिलीप बोरकार
*लेखक*

हांच्यो हेर साहित्यकृती

भरतेभार, (कला अकादमी पुरस्कार १९८२), वर्गशत्रू, आण्टीची गादी, आयज आमचें राज आयलें (नाटकां), कॅन्सर (एकांकी संग्रह), दर्यासुंदरी (बालगितिका),

गोमांचल ते हिमांचल (भोंवडे खबर) पुस्तकाक १९८५ वर्साचो कला अकादमी पुरस्कार आनी १९९५ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार